# गोंयात जर्मन नॅशनल युथ ऑर्केस्ट्रा कार्यक्रम

ता. 19 जानेवारी 2018
29पौष 1939

जर्मन नॅशनल युथ ऑर्केस्ट्राचो युवा संगीत कलाकारांचो पंगड भारताच्या भेटीर आयिल्लो आसून हो ऑर्केस्ट्रा पंगड मुंबय आपलो कार्यक्रम सादर केले उपरांत गोंयात येतलो आनी ता. 23 जानेवारीक दिनानाथ मंगेशकर सभाघर, कला अकादमी,पणजी आनी ता. 24 जानेवारीक रविंद्र भवन मडगांव हांगा कार्यक्रम सादर करतलो. दोनीय कडेन सांजेच्या 7.00 वरांचेर ऑर्केस्ट्रा कार्यक्रमाक सुरवात जातली. कला अकादमीत मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांचे हस्तूकीं कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत आनी रविंद्र भवनात नगर नियोजनमंत्री श्री. विजय सरदेसाय हांचे हस्तूकीं ऑर्केस्ट्रा कार्यक्रमाचे उक्तावण जातले.

हर्मन बावमर हांच्या फुडारपणाखाला जर्मन युथ ऑर्केस्ट्राचे संवससारभर कार्यक्रम जातात. पंगडाचे 14 ते 19 वर्सा पिरायेचे युवा संगीत कलाकार जर्मन संगीत आनी संस्कृतीचो प्रसार करपाचो वापर करतात. संगीत आनी संस्कृतीवांगडाच जर्मन इतिहास, फुटबॉल, बर्लीन एअरलीफ्ट आनी हेर संस्कृतीचो ऑर्केस्ट्रात आसपाव आसता. ऑर्केस्ट्राच्या वावराक जर्मन सरकाराची आनी खाजगी देणगीदारांची मदत मेळटा.

गोंयच्या संगीत मोगीनी पणजी आनी मडगांव जावपी ऑर्केस्ट्रा कार्यक्रमाक हजर रावन जर्मनीच्या युवा कलाकारांक प्रोत्साहन दिवचे.